**भलायकेच्या नव्या आव्हांनाक सामोरे वचपाक उपाय करपाची गरज-श्री. सुधीर महाजन**

ता. 7 एप्रिल 2017
17 चैत्र 1939

समाजात भलायकेच्या मळार साबार नवी आव्हाना निर्माण जाल्ली आसा आनी अशा आव्हानांक सामोरे वचपाक उपाय करपाची गरज आसा अशे भलायकी सचिव श्री. सुधीर महाजन हांणी सांगले.

श्री. महाजन आयज बांबोळी हांगा नर्सिंग एज्युकेशन संस्थेत भलायकी सेवा संचालनालयान आयोजित संवसारीक भलायकी दिस कार्यक्रमात उलयताले. डिप्रेशन-लॅटस् टॉक अशो हया वर्साच्या संवसारीक दीसाची संकल्पना आसा.

मानसीक ताणतणावातल्यान मुक्त जीण जगपाखातीर मनशान विचारांच्या चक्रांत घुरम्टत रावनासतना आपल्या मनातले विचार एकामेकाकडेन मांडपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगले.

डॉ. विक्रम पटेल हांणी मानसीक भलायकीच्या मळावयल्या उपायांची म्हायती दितना मानसीक दुयेंतीक गरजेच्या उपचार सुविधा उपलब्ध करून दिवपाची गरज उक्तायली.

भलायकी सेवा संचालक डॉ. संजीव दळवी हांणी भलायकी सेवा खात्यावतीन दुयेंसाक आळाबंद घालपाखातीर करपात येवपी प्रतिबंद आनी उपचार येवजणांची म्हायती दिली.

गोंय वैजकीय महाविद्यालयाचे डिन डॉ. प्रदीप नाईक, अन्न आनी औषद प्रशासन संचालक श्री. सलीम वेलजी, भलायकी सेवा खात्याचे उपसंचालक डॉ. जुजे डिसा आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.